## मुख्यमंत्र्यान पर्यटन आनी कदंब येरादारी महामंडळाच्या कामाचो  नियाळ घेतलो

ता. 15 जून  2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळ आनी कदंब येरादारी महामंडळाच्या अधिकाऱ्यांच्यो बसका घेवन दोनीय महामंडळांच्या कामाचो नियाळ घेतलो. तशेंच मुख्यमंत्र्यान आयज ट्रॅव्हल एण्ड टुरिजम संघटनेच्या वांगड्यांचीय बसका घेतली.

पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर बसकेक हजर आशिल्ले.

मुख्यमंत्र्यान कदंब येरादारी महामंडळान कोवीड म्हामारीच्या काळांत समाजीक अंतराच्या नेमांचे पालन करून भलायकी कर्मचारी आनी दुयेंतीक यो-वच करपाखातीर दिल्ल्या सेवेची तोखणाय केली. म्हामारीच्या काळांत समाजीक अंतराचे पालन करपा खातीर महामंडळाक 50 टक्के प्रवाशांक  घेवन सेवा दिवची पडली. कदंब येरादारी महामंडळान आपलो महसूल वाडोवपाखातीर नवे प्रकल्प आनी येवजणो राबोवपाक जाय, अशें मुख्यमंत्र्यान सुचयले.

उपरांत गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळाच्या बसकेत उलयताना पर्यटन वेवसाय हो गोंयच्या अर्थवेवस्थेचो मुखेल आदार आशिल्ल्याचे सांगून महामंडळान आपले कार्य वाडोवपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगले. पर्यटनाच्या मळार सेवा वाडोवपाखातीर भरपूर वाव आसून पर्यटकांक आकर्शीत करपाखातीर वेगळ्यो वेगळ्यो संकल्पना अमलात हाडपाक महामंडळान प्रयत्न करपाक सांगले.

पर्यटनमंत्री श्री. आजगांवकर हांणी कोवीड म्हामारीचे संकश्ट सोपले उपरांत खास करून देशी पर्यटकांक गोंयांकडेन आकर्शीत करपाखातीर प्रयत्न करपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगले.

त्याउपरांत मुख्यमंत्री  आनी पर्यटनमंत्री ट्रॅव्हल एण्ड टुरिजम संघटनेच्या बसकेक हजर रावले. बसकेक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. निलेश शाह आनी हेर वांगडी, पर्यटन सचीव श्री. जे. अशोक कुमार, पर्यटन संचालक श्री. मिनिनो वाज आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले. बसकेत संघटनेच्या वेगळ्या वेगळ्या मागण्यांचेर चर्चा जाली. संघटनेच्या वांगड्यांनी वेगवेगळ्या शुल्कां खातीर सुट दिवपाची मागणी केली.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/535

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji